**कृशी संशोधन केंद्रान शेतकारांक भाजयांची बियां वाटली**

ता. 27 ऑक्टोबर 2020

पोरणें गोंयच्या भारतीय कृशी संशोधन विकास केंद्रान म्हार्दोळ गांवच्या अनुसूचीत समाजातल्या शेतकारांक वेगवेगळ्या भाजयांची बियां आनी फळझाडांचे रोपे वितरीत केले. गोंयच्या अनुसूचीत जातीतल्या शेतकारांक फळझाडांचे रोपे आनी भाजयांच्या बियाणांचें वाटप ह्या येवजणे खाला केंद्रा वतीन अशें वाटप करपात येता.

प्रकल्प अधिकारी श्री. शशी विश्वकर्मा हांणी ह्या वेळार येवजणेची सविस्तर म्हायती दिली. ज्येश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ. बी. एल. काशिनाथ हांणी कृशी विकास केंद्राच्या कार्याची म्हायती करून दिली जाल्यार कु. मनिषा हांणी गंजणाची लागवड आनी रानवटी दुकरांपासून पिकाची राखण करपा विशीं शेतकारांक मार्गदर्शन केले.

सुमार 20 शेतकारांक टमाट, मिरसांग, मुळो, पालक, मेथी, दुधी, घोसाळी आनी हेर भाजयांची बीयां आनी भिरंड, पेर, लिंबू, पोपाय, झांबळा आदीं फळझाडांचे रोपे तशेंच तांबड्या आबोलींची बियां आनी गंजणाचे रोपे वितरीत केले.

श्री. एच. आर. सी. प्रभू हांणी उपस्थित मानेस्त आनी शेतकारांचे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/616

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji